गोवा सरकार

माहिती आणि प्रसिद्धी खाते
पणजी गोवा
'माहिती हक्क कायदाःपरिचय आणि विश्लेषण' ह्या पुस्तकाचें २३ ऑक्टोबराक लोकार्पण

२१ ऑक्टोबर, २०२६

राजभाशा संचालनालया वरवीं माहिती अधिकारा विशीं जन जागृताय करपाच्या उद्देशान आदले राज्य माहिती आयुक्त श्री. संजय नारायण ढवळीकर हांणी बरयिल्ल्या 'माहिती हक्क कायदाःपरिचय आणि विश्लेषण' ह्या मराठी पुस्तकाचो प्रकाशन सुवाळो शुक्रार, ता. 23 ऑक्टोबर 2026 दिसा सांजेच्या 3.30 वरांचेर, भोवउद्देशी सभाघर, कला आनी संस्कृती संचालनालय, पणजी हांगा घडोवन हाडला.

ह्या पुस्तकाचें लोकार्पण एनआरआय आयुक्त ॲड. नरेंद्र सावईकर हांचे हस्तुकीं जातलें. तशेंच मानाचे सोयरे म्हूण शिक्षण आनी राजभाशा सचीव श्री. प्रसाद लोलयेकार, आयएएस, आनी राजभाशा संचालक श्री. विवेक कृष्णा नाईक हाजीर आसतले.

माहिती हक्क कायदो 2005 क 20 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान ह्या पुस्तकाचें प्रकाशन जाता. माहितीचो अधिकार हो सरकारी कामकाजांत पारदर्शकता आनी उत्तरदायित्वांसुनिश्चीत करपा खातीर नागरिकां खातीर दिल्लो एक म्हत्वपूर्ण अधिकार आसा. ह्या कायद्याचीं उद्दिष्टां, मुखेल तरतुदी, कार्यपद्धती तशेंच ताचे हेर पैलूंची माहिती सर्वसामान्य नागरिकां खातीर सुलभ आनी सोंपे भाशेंत उपलब्ध जावची, ह्या उद्देशान हें पुस्तक बरयलां.

ह्या पुस्तकाच्या माध्यमांतल्यान नागरिकांक माहिती अधिकारा विशीं सविस्तर माहिती मेळावंक मजत जातली. ह्या कायद्याचो प्रभावी वापर करपाचे बाबतींत जागृताय निर्माण करपाकूय हातभार लागतलो.

ह्या पुस्तक प्रकाशन सुवाळ्याक नागरिकांनी आनी संबंदितांनी व्हडा संख्येन हाजीर रावचे, अशें आवाहन राजभाशा संचालक श्री. विवेक कृष्णा नाईक हांणी केला.

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.